# गोंयच्या लोकांनी राज्यात शांतीकाय, एकजूट आनी सामाजीक सलोखो राखून दवरपाचो राज्यपालाचो उलो

,ता. 26 जानेवारी 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक राज्यात शांतीकाय, सामाजीक सलोखो, इश्टागत आनी एकजूट राखून दवरून आमच्या संविधानात आस्पावित आदर्श आनी ध्येयां साध्य करपा खातीर एकवट, सहकार्य, समर्पित आनी चैतन्य भावनेन प्रयत्न करपाचो उलो मारला.

राज्यपाल आयज कांपाल परेड मैदानाचेर राज्य पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून उलयताले. राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत राज्यपालान लश्कर, नौदळ, तटरक्षक दळ, पुलीस, गृहरक्षक, एनसीसी आनी विद्यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना स्विकारली.

फुडें उलयताना श्री. मलीक हांणी म्हणले, गोंय हे नेटान प्रगती करपी देशातले एक राज्य जावन आसा. गोंय हे सामाजीक, उद्देगीक, पर्यटन, खेळाच्या मळार प्रगतशील आनी वास्तविकपणान कनेक्टिव्हिटी आशिल्ले राज्य जावन आसा. गोंय राज्य दर्या मार्गाच्या साधनसुविधांनी जोडिल्ले आसा आनी रोखडोच स्वताचो आंतरराष्ट्रीय विमानतळय तयार जातलो, जाका लागून गोंयात पर्यटन उद्देगाची वाड जातली आनी राज्याच्या सामाजीक-आर्थिक विकासाक मदत जातली. राज्यात फार्मास्युटिकल उद्देगाच्या मळार मजबुत बुन्याद घातल्या, तशेंच बायोटॅक्नोलॉजी आनी माहिती तंत्रज्ञाना सारख्या गिन्यानाचेर आधारित उद्देगांचेय हब म्हुण फुडें येता.

शाश्वत विकासाची उद्दीश्टां पुर्ण करपाच्या दिकेन राज्य बरे तरेन प्रगती करता. निती आयोगान प्रसिध्द केल्ल्या एसडीजी इंडिया इंडेक्स 2019-2020 त राज्य 7 व्या नंबराचेर आसा, हे गोंया खातीर अभिमान जावन आसा. गोंय भूकमारी पासून मुक्त आसा. तरी आसतना इनोव्हेशन, हवामान बदल आनी उदकातल्या जीव संपत्तीविशीं सुदारणां करपा खातीर आनीक प्रयत्न करपाची गरज आसा.

राज्य सरकार शेती मळार आधुनिक तंत्रज्ञान, बाजार सुविधां आनी उत्पादनांचो दर्जो वाडोवन शेती मळार शाश्वत विकास करपाच्या दृश्टीन प्रयत्न करता. शेती मालाचो वेपार वाडोवपा खातीर आंबो, काजू ह्या सारख्या नगदी पिकांच्या लागवडीक प्रोत्साहन दिवपाची गरज आसा. राज्य सरकारान आता सेंद्रीय शेतीचेर लक्ष केंद्रीत केल्ले आसा आनी सुमार 10,000 हेक्टर जमीन सेंद्रीय शेत लागवडीखाला हांडपाची येवजण आसा, अशें राज्यपालान सांगले.

सैमान सोबित आशिल्ल्या गोंयात लाखांनी देशी तशेंच विदेशी पर्यटक भेट दितात. ऑगस्ट 2019 मेरेन 37,06,614 देशी आनी 4,93,820 विदेशी पर्यटकांनी गोंयांत भेट दिली. पर्यटन साधनसुविधांच्या विकासा खातीर तशेंच गोंय हे परिशदो, बसकां आनी प्रदर्शनां आयोजीत करपाचे हब करपाचेर सरकारान भर दिला. दिवचले मयेच्या तळ्याचो विकास करून थंय बग्गी जंपिंग सारखो साहसी खेळ सुरू केला. गोंय हे लग्न सुवाळ्याखातीर उत्कृश्ट स्थळ आसा. साहसी पर्यटना खातीर गोंयांक केंद्र सरकाराच्या पर्यटन मंत्रालयाकडल्यान 2017-2018 वर्साचो राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाला.

राज्यपालान म्हणले, गोंय रानजीव संपत्तीन समृध्द आसा. राज्याचो 68 टक्के वाठार रानाखाला आसा. राज्य सरकार लोकांच्या सहभागान समृध्द सैमीक आनी जैवविविधतायेचो वारसो सांबाळून दवरपाक आनी वेगवेगळ्या विकासाच्या प्रकल्पांक लागून झाडां वा रानांचे कसलेय लुकसाण जाले जाल्यार ताची भरपाय करपाक कटिबद्द आसा. वनमहोत्सवाच्या निमतान नागरीक, विद्यार्थी, संस्थां आनी उद्देगीक वसणूकांक झाडां रोवपाक प्रोत्साहन दितात. रान खात्यावतीन लोकांक खास करून फळझाडांचे फुकट वाटप करपात येता. सागरी जैवविविधतायेचो सांबाळ करपाक प्रोत्साहन दिवपात येता.

आमचे संविधान स्विकारिल्ल्याचे हे 70 वे वर्स आनी त्यानिमतान राज्यात उद्देशीकेचे वाचन, संविधानाचेर व्याख्यानां, चर्चासत्रां, वक्तृत्व स्पर्धां, निबंद स्पर्धा, चित्रकला/ पोस्टर स्पर्धा अशें अनेक कार्यक्रम आयोजीत करपात येतात.

राज्यपालान देशात कायदो आनी सुवेवस्था राखपी यंत्रणां, निमलश्कर दळां आनी लश्कर दळांप्रती कृतज्ञताय व्यक्त केली आनी तांची कटिबद्दता आनी त्यागाक लागून आमी आमच्या स्वातंत्र्याचो उपभोग घेतात, अशें म्हणले.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं पुलीस आनी उजो पालोवपी दळातल्या जवानांक उत्कृश्ट सेवेखातीर पदकां भेटयली.

उपरांत शाळांच्या भुरग्यांनी रंगारंग सांस्कृतीक आनी कवायतींचो कार्यक्रम सादर केलो.

सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विरोधी पक्षनेते श्री. दिगंबर कामत, आमदार श्री, फ्रांसिस सिल्वेरा, पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर, एडव्होकेट जनरल श्री. देविदास पांगम, मुख्यसचिव श्री. परिमल राय, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका, सरकारी सचिव, सुरक्षा दळांचे अधिकारी, सरकारी खात्यांचे मुखेली, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2020/74